०८.०३.०२०२५ सकाळी ७.२५ वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभागा

प्रादेशिक खबरो

बायला देशाच्या जडणघडणीत महत्वाची भुमिका वठयतात, ताका लागुनुच सरकारान बायलांच्या सक्षमीकरणाक महत्व दिला अशे राज्यापाल पी. एस श्रीधरन पिल्लय हांणी म्हणला.बेटी बचाव बेटी पढाव उपक्रमावरवी चालीक लायिल्लया वेगवेगळ्या येवजण्यांखातीर महिला सक्षमीकरणाक बरी माची मेळ्ळया अशे ह्यावेळार राज्यापाल पी. एस श्रीधरन पिल्लय हांणी म्हणला. गोंय सरकार लेगीत बायलाच्या सक्षमीकरणाच्या नदरेतल्यान बरे काम करता अशी तुस्त राज्यपालान ह्यावेळार केला.ते बेटी बचाव बेटी पढाव येवजणेक 10 वर्सां पुरा यजाल्या निमतान आयोजित केल्या खासा कार्यावळीत उलयताले. ही कार्यावळ पणजे दोनापावल राजभवनात दरबार सभाघरात जाली. बायलांक रेसपेदान वागोवपाक जाय, दादलो आनी बायल असो भएदभाव जावपाक जायना, गोंय सरकारा बायलांक अर्थिक, सामाजिक नदरेतल्यान सक्षम करपाक काम करता अशे ह्यावेळार बायला आनी भुरगी उदरगत खात्याचे मंत्री विस्वजीत राणे हांणी म्हगणला. बेटी बचाव बेटी पडाव येवजणेचो लाव गोंयच्या सगळ्या बायलांक मेळोवन दिवपाखातीर सरकार काम करता अशेयं तांणी म्हणला.

गोंयांत येवपी बायलां पर्यटकां खातीर खोशयेची खबर.संसारीक बायलां दिसाचे निमतान गोंय पर्यटन उदरगत महामंडळ खासा बायलां खातीर आपले हॉटेलांत रावपाक 50 टक्के सुट दितली, अशी म्हायती जीटीडीसीन परिपत्रका वरवीं दिल्या.संसारीक बायलां दिसा निमतान गोंयात चड पर्यटक येवचे ह्या हेतान जीटीडीसीन हे पावल उबारलां. जीटीडीसीची गोंयभर गोव रेसिडेन्सी ही हॉटेला आसात त्या हॉटेलांनी कुडींच्या बुकींगाचेर बायलांक 50 टक्के सुट मेळटली.7 मार्च ते 9 मार्च मेरेन बायलां पर्यटक जीटीडीसीच्या रेसीडेन्सी हॉटेलात रावतली तांकां 50 टक्के सुट दिवपाचो आदेश परिपत्रका वरवीं जारी जालां.

गोंय विद्यापीठांत केल्या एका संशोधनांत बांगडो आनी शेवटो ह्या म्हत्वाच्या नुस्त्यांच्या पोटांत मायक्रोप्लास्टीक दिसून आयला. मायक्रोप्लास्टीक वा सुक्ष्मप्लास्टीक हे 1 मायक्रोमीटर ते 5 मिलीमीटरामदी आसता. गोंयांत व्हड प्रमाणांत खावपी दोनूय नुस्त्यांच्या जठरान्त सरासरी स मायक्रोप्लास्टीक कण आशिल्ल्याचें दिसून आयलें. गोंय विद्यापिठाच्या जैविक विज्ञान आणि जैवतंत्रज्ञान विभागातल्या वेदा मणेरीकर आनी प्रा. संजीव घाडी, रसायन शास्त्र विभागाच्या डॉ. विनोद मांद्रेकार आनी प्रा. विष्णु नाडकर्णी तशेच गोंय वैजकी म्हाविद्यालयाच्या सामुदायिक वैजकी विभागांतल्यान डॉ. मनोजकुमार कुलकर्णी हाणी हे संशोधन केला. फेब्रुवारी 2025आंत रिजनल स्टडीज इन मरीन सायन्स ह्या जरनलांत उजवाडाक आयिल्ल्या ह्या अभ्यासांत दर्याच्या अन्न साखळींवरवी मायक्रोप्लास्टीकाच्या धोक्याची शिटकावणी मेळता. तातूंत बेगोबेग प्रदुशण उणें करपाची गरज आसा हाचेर भर दिला. संशोधकांनी बागा, कोल्वा, केरी आनी गाल्जीबाग दर्यादेगो तशेंच शापोरा, मांडोवी, ज़ुआरी, साळ ह्या मुखेल न्हंयांतल्यान तीन हंगामांत- पावसा पयलीं, पावसात आनी पावसा उपरांतच्या काळांत उदक आनी रेव एकठांय केल्ली. तशेच पावस सोपतकीच ह्याच सगळ्या सुवातातल्यान नुस्ते घेवन तातुंतल्या मायक्रोप्लास्टीकाचेर अभ्यास केल्लो. मेळिल्ल्या सूक्ष्मप्लास्टीकांमदी चडशे कुडके १०० मायक्रोमीटर ते १ मिलीमीटरामदीं आशिल्ल्यान नुस्ती हे खाण समजून खातात आनी तेवरवी दर्यांतल्या जीवांक चड धोको निर्माण जाता.

शिक्षण खात्याकडे नोंदणी नाशिल्ली पुर्व प्राथमिक शैक्षणिक संस्थाचेर शिक्षण खाते कडक कारवाय करतले अशी शिटकावणी शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी दिल्या. राज्यात कांय खाजगी पुर्व प्राथमिक शाळा चलतात अशे शिक्षण खात्याच्या नदरेक आयला. ह्या शाळांकडे शिक्षण खात्याची परवानगी ना, ताका लागुन त्यो नोंदणीकृत नाशिल्यान ह्यो शाळा बेकायदेसीर थारता, असा शालांनी पालकांनी आपल्या भुरग्यांक घालचे न्ही, तांचे शिक्षण ग्राह्य धरचे ना अशे झिंगडे हांणी कळीत केला. तशेच बेकायदेशीरपणान शाळा चलोवपी वेवस्थापनाचेंक 50 हजार दंड दितले. ते भायर दर दास 10 हजार रुपया इतक दंड दितले. गोंय राज्य शिक्षण कायद्यावरवी पुर्व प्राथमिक शालांनी नोंदणी महत्वाची आसा. फुडल्या एका म्हयन्याभितर राज्यातल्या अशा शाळांचो सर्वे शिक्षण खाते करतले, ते खातीर तालुका पावंड्यावेले तशेंच विभागिय पांवड्यावेले शिक्षण अधिकारी काम करतले अशी म्हायती शैलेश झिंगडे हांणी दिल्या.

आकाशवाणी पणजी  तातुरत्या कराराचेर कोंकणी निवेदक पदाखतीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयता**शिक्षणीक पात्रताय :: पदवी मेरेनचें शिक्षण गरजेचे. पिराय FM Rainbow खातीर 21 ते 40 वर्सा तशेंच कोंकणी वांगडा मराठी भाशेचें गिन्यान गरजेचें. अर्जा वांगडा शिक्षणीक दाखले तशेंच आधार कार्ड  पॅन कार्ड आणी फोटो जोडचे, कामाच्या दिसांनी 11 ते 1 वरां मजगती तुमचे पुराय भरिल्ले अर्ज आकाशवाणी पणजी आल्तीन पणजे दिवपाचे.*. *अर्ज पावपाची निमणी तारीक, 17 मार्च 2025 आसा. अर्जा वांगडा परीक्षे खातीरची फी भरची पडटली.हे जागे तातुरत्या कराराचेरच आसात हे लक्षात घेवचे

रवींद्र भवन साखळी आनी पद्मिनी फाउंडेशन हांच्या जोडपालवान फाल्यां 8 मार्च साखळी रवींद्र भवनात दनपारां अडीच वरांचेर स्वयंपूर्णा :उत्सव स्त्रीच्या अस्तित्वाचा" ही कार्यावळ आयोजित केल्या. हे सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हूण मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हजर आसतले. त्यांच्या वांगडा जिल्हो पंचायत वांगडी गोपाळ सुर्लेकर ,पद्मिनी फाउंडेशनची अध्यक्ष सुलक्षणा सावंत ,साखळी नगरपालिकेची नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू आनी साखळी रविंद्र भवन चे उपाध्यक्ष दत्ताराम चिमूलकर हजर आसतले. जागतिक महिला दिनाच्या निमतान आयोजित हे खाशेले कार्यावळीक सगळ्यांनी व्हडासंख्येन हजर रावचें अशे आवाहन कार्यावळीची संयोजक स्वाती माइणकर हिणें केला.

आकाशवाणी पणजी तातुरत्या कराराचेर कोंकणी निवेदक पदाखतीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयता**शिक्षणीक पात्रताय :: पदवी मेरेनचें शिक्षण**पिराय :: FM Rainbow खातीर 21 ते 40 वर्सा तशेंच कोंकणी वांगडा मराठी भाशेचें गिन्यान गरजेचें. अर्जा वांगडा शिक्षणीक दाखले तशेंच आधार कार्ड पॅन कार्ड आणी फोटो जोडचे**कामाच्या दिसांनी 11 ते 1 वरां मजगती तुमचे पुराय भरिल्ले अर्ज आकाशवाणी पणजी आल्तीन पणजे दिवपाचे.*. *अर्ज पावपाची निमणी तारीक :: 17 मार्च 2025 आसा*अर्जा वांगडा परीक्षे खातीरची फी भरची पडटली.**हे जागे तातुरत्या कराराचेरच आसात हे लक्षात घेवचे